भुरग्याक पवित्र पुस्तक

सादर करपी



# एलिशा, चमत्कार करपी मनीस

बरोवपी. :- Edward Hughes

समजावपी :- Lazarus
Alastair Paterson

बानून घेवपी :- Ruth Klassen

अनुवाद करपी :- सिप्रियानो गोन्सालवीस

सादर करपी :- Bible for Children
www.M1914.org

©2023 Bible for Children, Inc.
लायसन्स विकीना तो परान कापी करपाची आनी प्रींट करपाचो आधिकार आसा.

देवाच्या भासेन बरोयलेली काणी तुमका उजवाड दितली.

नांगर ओडपाक जाय तितले बैल नाशिल्ले.

आनीक एक गरज आशिल्ली. ताका लागून एलीशा नांवाचो एक तरणाटो शेतकार निरुत्साहीत जालो ना! ताणें फकत बैलां वांगडा एकठांय येवन, गळून पडल्ल्या बैलाची सुवात घेतली. तो एक बळिश्ट, हुशार कश्ट करपी मनीस आसूंक जाय.





एलीशा नांगरता आसतना देवाचो संदेष्टो एलियान थंयच्यान येवन ताका आपयलो. तो तरणाटो देवाचो सेवक जावपाक आपले शेत सोडून गेलो. एक दीस देवान एलीयाक सर्गार व्हेलो. आतां एलीशा इज्रायलाक देवाचो संदेष्टो आशिल्लो.



एलिया गेल्ल्यान एलीशा दुख्खी जालो तरी ताणें देवान ताका एलिया सारकी सत्ता दिवची अशें मागणें केलें. एलीशान एलीयाचो चोळो उखललो आनी एलियान केल्ल्या प्रमाणें न्हंयच्या व्हांवपी

उदकाक मारलो. उदक वांटून गेलें! आतां एलीशाक कळ्ळें की देव ताचे वांगडा आसा.



एलीशा बेथेल नांवाच्या शारांत वता आसतना कांय तरणाट्यांनी ताची फकाणां केलीं, “उच वच, टक्कलया!” एलीशा देवाचो सेवक आसा हाची तांकां कांयच पर्वा नाशिल्ली. तांकां एक धक्को दिवपी गजाल घडली. दोन मादी अस्वल रानांतल्यान भायर सरले आनी बाचाळीस तरणाट्यांक मारले.

एक दीस एलीशाक एक विधवा मेळ्ळी, तिका रिण आशिल्ले जे तिका परत करपाक मेळ्ळे ना. ताचे पयशे



मेळोवपाखातीर तिचो रिणकार विधवेच्या दोग पुतांक गुलाम म्हणून घेवपाचो आशिल्लो. “जा, तुज्या सगळ्या शेजाऱ्यां कडल्यान आयदनां रीण घे... रितीं आयदनां” एलिशान म्हणलें. त्या बायले खातीर देव कितें तरी अद्भुत करपाचो आशिल्लो.



विधवेच्या घरांत फकत एक ल्हान तेलाचे आयदन आशिल्लो. पूण त्या ल्हान आयदनांतल्यान तिणें तीं सगळीं आयदनां भरपा इतलें तेल ओतलें! त्या काळांत तांकां न्हावपाक टब आसले जाल्यार देवान थो भरून दवरपाचो अशें तुमकां दिसता? विधवेन तें तेल विकून आपल्या पुतांक वाचयले.



आन्येक बायल आनी तिच्या घोवान
आपल्या घरांत एक खाशेली खोली
तयार केली, जाका लागून
एलीशा थंयच्यान वताना
थंय रावंक शकतालो.
कुडींत तांणी
खाट, मेज, कुर्सी
आनी दिव्याचो
खांबो दवरलो. ती
खोली सदांच एलिशा
खातीर आशिल्ली.



एलीशाक ह्या जोडप्याचीं बरीं कर्तुबां कशीं फारीक करूं येतात असो प्रशन पडलो. तांकां भुरगीं नात हें कळटकच ताणें बायलेक कठीणपणान विस्वासांत घेवपा सारकें कितें तरी सांगलें. “फुडल्या वर्सा ह्याच वेळार तुका एक पूत जातलो.” खात्रीन एक वर्सा उपरांत भुरगें जल्माक आयलें.



कांय वर्सां उपरांत तोच भुरगो बापाय वांगडा शेतांत आशिल्लो. “म्हजी तकली, म्हजी तकली” तो भुरगो रडलो. तांणी त्या भुरग्याक आवय कडेन हाडलो तेन्ना तो दनपारां मेरेन तिच्या मांडयेर बसलो, आनी मागीर मेलो. आवयन त्या भुरग्याक एलीशाच्या कुडींतल्या खाटीर दवरलो. तिका कोण मजत करूंक शकता अशें तुमकां दिसता?



एलीशा म्हणलें? हें बरोबर! गाढवाक काठी घालून ताका सोदपाक ती पुराय वेगान गेली. एलीशा तिच्या घरा आयलो, एकटोच वयर वचून सर्वेस्पराक मागणें केलो. देवान त्या भुरग्याक जिवो केलो.

एलिशान त्या बायलेक



आपोवन म्हणलें, “तुज्या पुताक उखलून घे.” ती कितली खोशी जाल्ली आसतली!



लागसारच्या सिरिया देशांत नामान नांवाचो एक सैन्य सेनापती रावतालो. तो धाडसी आनी बळिश्ट आशिल्लो, पूण ताका कुश्ठरोग नांवाचो एक भयानक कातीचो रोग आशिल्लो.

नामानाचे बायलेक इज्राएलांतल्यान धरून व्हेल्ली एक ल्हान गुलाम आशिल्ली. ह्या ल्हान चलयेन म्हणलें, “नामान इज्रायलांत आशिल्ल्या संदेष्ट्या वांगडा आसलो जाल्यार! तो ताका ताच्या कुश्ठरोगा थावन बरे करतलो आसलो.



नामान एकाच वेळार संदेष्ट्याक पळोवपाक भायर सरलो. ताणें रुपें, भांगर आनी सोबीत कपडे भेटवस्तू म्हणून घेतले.



एलीशाचो नोकर भायर आयलो आनी म्हणपाक लागलो, “जॉर्डन न्हंयांत सात फावटीं धुवन वच आनी तूं निवळ जातलो.” नामान रागान भरिल्लो. ताका आपल्याच देशांतल्या, सिरियाच्या निवळ, ताज्या न्हंयांनी धुंवपाक मेळनाशिल्लें? रागान तो घुंवून घरा कडेन मुखार सरलो.





नामानाच्या सुदैवान ताच्या
नोकरांनी ताका एलीशाची
आदन्या पाळपाक उलोवप
केलें. ताका लागून नामान
सकयल देंवलो आनी
सात फावटीं जॉर्डन
न्हंयांत बुडलो. आनी नामान
कुश्ठरोगी बरो जालो! मागीर
नामान खऱ्या देवाची,
एलीशाच्या देवाची,
कुश्ठरोगांतल्यान बरे केल्ल्या
सर्वेस्पराची आराधना केली.



देवान आपलो सेवक एलीशा मेल्या उपरांत लेगीत वापरलो. एक दीस एलीशाक ब-याच आदीं पुरून दवरल्ल्या लेण्यांत एक मनीस पुरलो. त्या मनशाची मेल्ली कूड संदेष्ट्याच्या हाडांक लागली तेन्ना तो मनीस जिवो जालो आनी पांयांचेर उबो रावलो. खरेंच, देवान आपली व्हडली शकती आपल्या विस्वासू सेवक एलीशा वरवीं दाखयली.

एलिशा, चमत्कार करपी मनीस

देवाच्या उतरांतली, पोवित्र पुस्तोकांतली एक काणी,

आमका मेल्टा

२ राजा २-१३

“तुज्या उतराचो प्रवेश उजवाड दिता”
स्तोत्र 119:130

# शेवट

हे पवित्र बायबल पुस्तक आमका आजापाचो सुंदर काणीयो सांगता देवाचे जाणे आमका रचल्यात ताका आमका जाणा जावपाक जाय.

देव जाणा आनी जायते वायट करतात ताका आमी पातक म्हणटाट. पातकाक मरण ही शिक्षा, पुण देव आमचो इतको मोग करता ताणे आपल्या एकल्या पुताक धाडलो. जेजु खुरर्सार मेलो, जेजु परत जिवंत जालो आनी सर्गार चडलो. तु तर देवाचेर विशवास दवरता ता`तुजी पातका भगझितली. तो तुमचे सागात रावतालो आनी तुमी ताच्या वागडा सदा काळ.

हे रातभर तुमी सनमानतात जाल्याक देवाक म्हणात मोगाळा जेजु हात सनमानता तु देव आनी आत तु म्हज्या पातका पासान मेलो आनी तु आता जियंत तु म्हज्या जिवितान यो आनी म्हजी पातका भोगस आनी म्हाका नवे जिवित दि हावे सदाच माग दिवपाक तुजे भुरगे कशे.

पवित्र पुस्तक वाचात आनी दर दिसा देवा कडेन उलयात! ज़ुांव 3:16